३०-०९-२०२६

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

- वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूश गोयल विस्कॉन्सिनांतल्या मिलवॉकी शारांत आयज आनी फाल्यां जावपी, जी-20 वेपार मंत्र्यांचे बसकेक हाजीर रावपाचे आसात.
- भारतान आपल्या सज्जतेत 'भू-रणनितीक विचार' (geo-strategic thinking) आनी 'आकस्मिक परिस्थितीचे नियोजन' (contingency planning) हांचो अविभाज्य घटक म्हूण आस्पावित करपाक जाय हाचेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी भर दिला.
- जम्मू-काश्मीरांतल्या बडगाम जिल्ह्यांत, काल सांजे सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या फारपेटात, लश्कर-ए-तैयबाच्या एका व्हड आतंकवाद्याक मारून वडयला.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळम, माहे आनी तमिळनाडू तशेच ईशान्य राज्यांतल्या कांय वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.
- भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदलो दूसरो एका दिसाचो आंतरराश्टीय क्रिकेट खेळ आयज गुवाहाटीत जातलो.

गोयल जी20 -

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूश गोयल विस्कॉन्सिनांतल्या मिलवॉकी शारांत आयज आनी फाल्यां जावपी, जी-20 वेपार मंत्र्यांचे बसकेक हाजीर रावपाचे आसात. अमेरिकेचे वेपार प्रतिनिधी जॅमीसन ग्रीर हाच्या आमंत्रणा प्रमाण ही बसका जाता. अमेरिकेच्या आपल्या भेटी वेळार, मंत्री गोयल भारत-अमेरिका द्विपक्षीय वेपार करारा खातीर, चर्चा मुखार व्हरपा विशीं अमेरिकेतल्या तांच्या समपदस्ता कडेन उलोवप करतले. मंत्री गोयल 29 सप्टेंबर ते 5 ऑक्टोबर मेरेन, अमेरिका भोंवडेर आसात. जी-20 बसकेंत भारत, वांगडी देशां वांगडा उत्की, समावेशक आनी पारदर्शक बहुपक्षीय वेपार पद्दत घटमूट करपा विशीं वावुरपाची आस्त दवरता. जी-20 बसकेचे फाटभुयेर मंत्री गोयल आपल्या समपदस्ता कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले. भारत आनी अमेरिकेमदीं वेपारी चर्चा चालू आसतना, मंत्री पीयूश गोयल हांची ही भेट जाता. तातूंतल्यान द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणूक संबंद आनीक घटमूट जातले, अशी आस्त आसा.

राजनाथ सिंह –

तंत्रगिज्ञानातलो बदल, अनिश्चितताय आनी भूगोलिक नदरेन लागींपण  हांकालागून निर्माण जावपी आव्हानांच्या फाटभूंयेर, भारतान आपल्या सज्जतेत 'भू-रणनितीक विचार' (geo-strategic thinking) आनी 'आकस्मिक परिस्थितीचे नियोजन' (contingency planning)  हांचो अविभाज्य घटक म्हूण आस्पावित करपाक जाय हाचेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी भर दिला. नवी दिल्लीत आयोजित केल्ल्या भारतीय नौदल कमांडर परिषदेत ते उलयताले. देशाचे उद्दिष्ट स्पष्ट आहे – संकश्ट दारार येवपाच्या पयलीच आपली सज्जता त्या संकश्टाक फुडो करपाक पूरायपणान सक्षम आसपाक जाय हे देशाचे मुखेल हेत स्पश्ट आसा, अशें तांणी म्हळे. हेवेळार मुखार उलयताना तांणी सांगले...

भारत-अण्वस्त्र–

सर्वसमावेशक भौशिक, भेदभाव विरयत आनी पडताळणी योग्य निःशस्त्रीकरणावरवी अण्वस्त्र मूक्त जगाची निर्मिती आनी  अण्वस्त्रांचे पूराय निर्मूलन करपाची आपली कटीबद्धताय भारतान परतून उलोवन दाखयला. आंतरराश्ट्रीय अण्वस्त्र निर्मूलन दिसा निमतान  न्यूयॉर्कात आयोजित संयुक्त राश्ट्रांच्या उंचेल्या पावंड्यावेल्या बसकेत विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे सचिव सिबी जॉर्ज हांणी भारताची भूमिका मांडली.

जयशंकर आशिया चायना -

भारताचे चीना कडेन फाटल्या वर्सा परस आता बरे संबंद आसात, अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी सांगलें. न्यूयॉर्कांत आशिया सोसायटीन आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना, मंत्री जयशंकर हांणी सांगलें, कि शिम वाद सुटावो जाले उपरांत, आत संबंद सुदारपाक लागल्यात.

Seva Sankalp –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात, हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता.

आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, प्रधानमंत्री मुद्रा येवजणेवरवी ही नदर, कशी चालीक लायल्या, हाची एक देख आमी तुमचे मुखार सादर करतात. प्रधानमंत्री मुद्रा येवजणेवरवी, 57 कोटी परस चड रीण आनी 40 लाख कोटी परस चड निधी वितरीत केला. 2015 वर्सा सुरू जाल्ली पीएम मुद्रा येवजण, निधी नाशिल्ल्यांक निधी दिवप आनी भारताच्या ल्हान उद्देगांची क्षमता जाणून घेवप, ह्या साद्या कल्पनेन, चालिक लायल्ली. कोलेटरल मुक्त पत-पुरवठ्यान कोट्यांनी सूक्ष्म उद्देगांक, औपचारीक अर्थीक वेवस्थेंत आस्पावित केले. तातूंतले 68 टक्के रीण बायलांक आनी 51 टक्के SC/ST/OBC रिणां घेवप्यांक, दिले. मुद्रा येवजणेंन 2015 ते 2018 ह्या काळांत, 1 पूज्य 12 कोटी अतिरिक्त नोकऱ्यो निर्माण केल्यो. ते उपरांत, तातूंत वाड जायत गेली. 2024 वर्सा मुद्रा रिणाची मर्यादा 10 लाखांवेल्यान 20 लाखांनी दुपेटीन वाडयली.

जम्मू-काश्मीर -

जम्मू-काश्मीरांतल्या बडगाम जिल्ह्यांत, काल सांजे सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकींत, लश्कर-ए-तैयबाच्या एका व्हड आतंकवाध्याक मारून उडयला. लश्कर-ए-तैबाचो कमांडर फौजी मूसा अशी ह्या आतंकवाद्याची वळख जाल्या. सोशल मिडिया पोस्टांत, भारतीय लश्कराच्या चिनार कोर्पान बुडगामांतल्या युसमार्गा लागसार कोराग हांगा लश्कर, पुलीस आनी केंद्रीय राखीव पुलीस दळ (सीआरपीएफ) हांणी संयुक्तपणान ही कारवाय केल्या, अशें सांगलां.

शिवराज सिंह चौहान –

शेतकारांक तांच्या उत्पादनाखातीर योग्य आनी फायदेशीर भाव मेळचे हेखातीर सरकार एका भोवआयामी धोरणाचेर काम करता अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी सांगले. ह्या धोरणामध्ये कापणी उपरांतचें वेवस्थापन,, शास्त्रीय पद्धतीन साठवण आनी विपणन वेवस्थेक बळगे दिवप हांचो आस्पाव आसा अशेंय तांणी म्हळे. नवी दिल्लीत आयोजित केल्ल्या 'राष्ट्रीय शेतकी परिषद - रब्बी मोहीम २०२६' च्या दुसऱ्या दिसा ते उलयताले. तूरडाळ, उडीदडाळ आनी मसूर ह्या पिकांची किमान आधारभूत मोलाचेर (MSP) १०० टक्के सरकारी खरेदी जातली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

अमित शाह –

घरमंत्री अमित शाह आयज पंजाब दौऱ्यार आसतले. जालंधरात ते 'ड्रग फ्री पंजाब यात्रे'क पाचवो बावटो दाखयतले. हेवेळार ते एका सभेत उलोवप लेगित करतले.

भाजपाचे अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी हे म्हंयन्यात १८ सप्टेंबरात पठाणकोटातल्यान सुरू केल्ल्या ह्या यात्रांनी १३ दिसांत सगळ्या ११७ विधानसभा मतदारसंघांतल्यान ४,००० किलोमीटरचे अंतर हुंपला. पंजाबातल्या घुंवळी वखदाआडच्या  झूंजाक एका जनआंदोलनात रूपांतरित करप, हो ह्या यात्रांचो मुखेल हेत आसा.

पंजाबात वाडट्या घुंवळी वखदांचो गैरवापर, इबाडलेली कायदो आनी सुवेवस्था आनी प्रशासनाच्या सगळ्या पावंड्यावेलो भ्रष्टाचार ह्या तीन मुखेल आव्हानांचेर ह्या यात्रांचें मुखेल लक्ष आसा.

हवामान  -

भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळम, माहे आनी तमिळनाडू तशेच ईशान्य राज्यांतल्या कांय वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयएमडीन दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, पुडुचेरी, ओडिशा आनी मध्य प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा वाठारांत वादळी वारें सयत गडगड मारून पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. मजगती, दिल्लीत आयज चडांत चड तापमान सुमार 32 ते 34 अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान सुमार 20 ते 22 अंश सेल्सियस उरतले, असो अदमास आसा.

क्रिकेट -

भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदलो दूसरो एका दिसाचो आंतरराश्टीय क्रिकेट खेळ आयज गुवाहाटीच्या बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमांत जातलो. हो खेल दनपारां 2:00 वरांचेर सुरू जातलो. तिरुवनंतपुरमांत जाल्ले पयले खेळात भारतान वेस्ट इंडीजाक आठ गड्यांनी हारयल्ले आनी विराट कोहली आनी शुबमन गिल हांणी शेकडो मारील्लो. आयच्या खेळात जैत मेळोवन  भारत खेळामाळेंत आपली आघाडी घटमूट करपाक यत्न करतलो.